**राष्ट्रपतीन आझाद मैदानाक भेट दिवन हुतात्म्यांक आर्गां ओपलीं**

ता. 19 डिसेंबर 2020

गोंय मुक्तीच्या 60व्या वर्स सुवाळ्याक हजर रावपा खातीर दोन दिसाच्या गोंय भेटेर आयिल्ले भारताचे राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांणी आयज पणजेच्या इतिहासीक आझाद मैदानाक भेट दिवन हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून सुटके झुजाऱ्यांक आर्गां ओपलीं.

राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, महापौर श्री. उदय मडकईकर आनी मुखेल सचिव श्री. परिमल राय हांणी राष्ट्रपतीक आझाद मैदानाचेर येवकार दिलो.

ह्या वेळार पुलीस पंगडान आपली शस्त्रां उरफाटी धरून हुतात्म्यांक शस्त्र मानवंदना दिली. पुलीस वाद्य पंगडान लास्टपोस्टची धुन वाजयली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/747

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa